# आकाशवाणी पणजीच्या

# प्रादेशिक खबरो दीता

18th March 2026 7.25am

## टीबी मुक्त मोहीम -

टीबी मुक्त भारत मोहीमेखाला, राज्यात दुयेंतीची खरपणान तपासणी करपा सयत दुयेसाविशी जागृताय जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. देश पावंड्यार टीबी मुक्त भारत, या 100 दिसांच्या मोहीमेक केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हांचे हस्तुकी सुरवात जाली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत वर्चुअल पद्दतीन ह्या कार्यावळीत वाटेकार जाले. भलायकी खात्याखातीर अर्थसंकल्पात भरीव तजवीज आसा. हे मोहीमेत वाटो घेतना, दुयेंतींची योग्य वेळार टीबी खातीर तपासणी जातली, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

## रश्मी - 140

कुडचडयार जाल्या सेक्स स्केण्डल विंशी चलयांच्या सुरक्षेचो प्रस्न उप्रासला. गोंय बायला आयोगान तशेचं गोंय भुरग्याचे आयोगान हे विशी स्वेच्छा दखल घेवन कारवाय करप गरजेचे आसा, असे गोंय कॉग्रेस बायला मोर्चा अध्यक्ष प्रतिक्षा खलप हांणी म्हणला. 'बेटी बचाव बेटी पढाव' येवजण कागदार. हे विशी राज्यान गंभीरताय ना, असो आरोप ताणी केला. ह्यावेळार बायला आयोगाक अध्यक्ष ना, हे ताणी नदरेक हाडुन दिले. असा परीस्थितीत गोंयच्या पीडीत बायलांक न्याय कसो मेळटलो, असो प्रस्न केला. संबंधित प्रकरणाची बायला आयोगान दखल घेंवन, चवकशी करुन, गुन्यावकार तरणाटयाचेंर खर कारवाय करची. हे खातीर आयोगान खासा चवकशी अधिकारी नेमची, अशी मागणी करपी निवेदन प्रतिक्षा खलप हाणी केला.

इतले मजगती, आम आदमी पक्षाचे मुखेली अरविंद केजरीवाल हांणी ह्या प्रकरणात घुसपल्ल्या तरणाटयाचेंर कडक कारवाय जावची, अशी मागणी केल्या. ह्या प्रकरणाची चवकशी कुडचडे पुलिसांनी, आता क्रायम ब्रांचीकडेन सोपयल्या.

रश्मी - 120

बंकीमचंद्र चटर्जी हांच्या वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक, १५० वर्सां पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान, आयज सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी, परतून 'वंदे मातरम'चे सामुहीक गायन जातलें. सरकारी कार्यालयां, शिक्षणीक संस्था, पंचायती, नगरपालिकां सयत भौशीक थळांचेर आयज सकाळी १० जावन १५ मिनटाचेर 'वंदे मातरम'चें गायन करचें, असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन फाट्यान जारी केला. ह्या निमतान वर्सभर कार्यावळी करपाचो निर्णय केंद्र सरकारान घेतला.

प्रसाद - 140

ऑल गोवा टॅक्स प्रॅक्टीशनर्स असोसिएशनान विद्यार्थ्यांक प्रशिक्षण दिवपा खातीर, स्वामी विवेकानंद युनिव्हर्सिटी बोर्डाच्या वाणिज्य महाविद्यालया कडेन समजीकायेची कबलात केल्या. शिक्षणीक मळार, उद्देगा मदलो फरक पयस करपा खातीर म्हत्वाचें पावल उबारून, असोसिएशनान स्वामी विवेकानंद युनिव्हर्सिटी बोर्डाच्या, कॉलेज ऑफ कॉमर्स, फोंडा हांचे कडेन समजीकायेची कबलात केल्या. असोसिएशनाचे अध्यक्ष श्रीपाद परब, इंटर्नशिप फॅसिलिटेटर राजेंद्र नार्वेकर आनी गुरुनाथ पाटडा हांचे वांगडा इंटर्नशिप आनी कोचिंग सुवीधा दितले. इंटर्नशिप काळांत सहभागी विद्यार्थ्यांनी शिस्त, वेळ पाळप आनी वेवसायीक आचरण सुनिश्चीत करपा खातीर, योग्य यंत्रणा स्थापन करपाचें दोनूय वटांनी मान्य केलां. हे भागीदारींतल्यान कर, लेखा आनी वाणिज्य ह्या वेव्हारीक तासा कडेन मोलादीक हाताळणी संपर्क मेळटलो. जाका लागून तांची रोजगार क्षमता आनी वेवसायीक कुशळटाय वाडटली, अशी आस्त आसा.

रश्मी १६०

गोंयांत सध्या काजुचो परमळ आनी घमघम, गांवगिऱ्या वाठारांनी पळोवपाक मेळटा. गोंयची फेणी, हुर्राक तशेच निरो, ह्या दिसातले गोयकरांचे आवडटे पेय. गोंयांत आयिल्ले पर्यटक लेगीत, गोंयचे फेणीक पयले प्राधान्य दिता. तर अशा ह्या काजुच्या हंगामान, गोंयात नेट धरल्ला. सध्या ३५ लिटर हुर्राकाचे मोल, ३ हजार रुपया जाल्यार ३५ लिटर फेणीचे मोल चार हजार रुपया, तर एक लिटर निरो 100 ते देडशे रूपया इतलो आसा. काजुच्यो बियो १७० रुपया किल आसा. हे शिवाय, काजुचे बीबे हांका बरी मागणी आसा. ५०० रुपयांक १०० बिबे सध्या बाजारात उपलब्ध आसा. काजुची शेती करप आता

काळाप्रमाण म्हारग जाला. मात, पयली पासुन आमच्या जाणट्यांनी ही काजुची पिकावळ घेवंन, ही परंपरा आमचेकडेन सोपयिल्लयान आम्ही काजुचे पीक घेता, अशी म्हायती आमका पार्शेचे काजुचे शेतकार प्रकाश साळगांवकार हांणी दिली.

<u>स्पोर्ट्स 30</u>

छत्तीसगढात जावपी पयल्या खेलो इंडिया आदिवासी खेळा सर्तीत गोयचे ६२ खेळगडे भाग घेतले. हि सर्त २५ मार्च ते 6 एप्रिल मेरेन जगदाळपूर आनी सुरगुजा हांगा जातली.

<u>वेदर - 20</u>

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33.5 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार